# राज्यपाला हस्तुकीं गरिबांक अन्न वाटपाच्या कार्यक्रमाचो शुभारंभ

ता. 17 मार्च 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज स्ट्रीट प्रोविन्स ह्या बिगर सरकारी संघटनेचे संस्थापक श्री. डोनाल्ड फर्नांडिस हांचे कडेन अन्नाचे पयले पाकिट सुपूर्द करून घरदार नाशिल्ल्या गरिबांक अन्न वाटपाच्या कार्यक्रमाचो शुभारंभ केलो.

स्ट्रीट प्रोविन्स ह्या बिगर सरकारी संघटनेवतीन गरिबांखातीर फुड बँक येवजण राबोवपात येता आनी संघटनेच्या 6 केंद्रांतल्यान गरिबांक अन्न वाटप करतात.

ह्या वेळार उलयताना राज्यपालान राजभवन स्ट्रीट प्रोविन्स ह्या बिगर सरकारी संघटनेच्या सहकार्यान सप्तकातल्यान एकदा शंभर लोकांक ताजें अन्न दितले, अशें सांगलें.

अन्न आनी वखदां प्रशासन खात्याच्यो संचालक श्रीमती ज्योती सरदेसाय हांणी अन्न सुरक्षा आनी भुकमारी कमी करपाच्या दिकेन हो उपक्रम म्हत्त्वाचे पावल आशिल्ल्याचे सांगून खास करून अन्न वेवसायिकांनी अशा उपक्रमांक सहकार्य करपाची गरज उक्तायली.

राज्यपालांचे सचीव श्री. मिहिर वर्धन हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/183

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji